# <u>राज्यातल्या णव शिक्षकांक राज्य शिक्षक पुरस्कार</u>

ता. ४ सप्टेंबर २०१८
भाद्रपद १३,१९४०

राज्यातल्या णव शिक्षकांक राज्य शिक्षक पुरस्कार भेटोवपाचो सुवाळो फाल्या शिक्षक दिसा कला अकादमींत जातलो. मुख्य सचिव श्री. धर्मेंद्र शर्मा हांचे हस्तुकी पुरस्कार भेटयतले. शिक्षण सचिव श्रीमती निला मोहनन कार्यक्रमाक हजर आसतल्यो.

**मुळाव्या शाळा गटांतः** श्री. संभाजी विष्णू राऊत, सरकारी मुळावी शाळा मेस्तावाडो बेतोडा फोंडा. **माध्यमीक शाळा गटांत** १. श्री सुभाष विठू सावंत, सातेरी विद्या मंदीर इब्राहमपूर २. श्री. गजानन राघोबा शेट्ये, श्री शातादुर्गा हायस्कूल, दिवचल, ३. श्रीमती श्वेता सुहास प्रभुदेसाय, महिला आनी नुतन हायस्कूल,मडगांव आनी ४. कु. विल्मा मारिया पेरेरा, दीपविहार हायस्कूल हेडलॅण्ड सडा.

**मुख्याद्यापक गटांतः** १. श्री देविदास कुडव, उप-प्राचार्य, जिल्लो शिक्षण आनी प्रशिक्षण संस्था, २. श्री गिरीश एम. तेंडुलकर, मुख्याद्यापक, गणनाथ इंग्लिश हायस्कूल, निरंकाल, फोंडा.

**शिक्षकाच्या श्रेणी १ गटांतः** १. कु. कोरा द कार्मो कुएल्हो, लोयला उच्च माध्यमीक विद्यालय मडगांव. **प्राचार्य गटांतः** १. श्री. रामदास वासुदेव केळकर, सप्तेश्वर उच्च शिक्षण संस्था, मांद्रे, पेडणें हांका पुरस्कार फावो जाला.

**मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/माधा/मपा/२०१८/१४९९**